06th July 2025 सकाळी – 8.40

आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं

मुखेल खबरो

- **प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज १७व्या ब्रिक्स शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर, ब्राझीलांतल्या रिओ द जानैरु पावले.**
- **प्रधानमंत्री मोदी हांणी, आर्जेन्टिनाचे राष्ट्रपती जॅव्हियर मिली हांचेकडेन फलादिक चर्चा केली. दोनूय फुडारी द्विपक्षीय संबंध वाडोवपाखातीर मान्य जाले.**
- **अमेरिकेच्या टेक्सासांत अचकित आयिल्ल्या हुंवाराक लागून, ३३ जणांक मरण. जाल्यार, २७ भुरगीं बेपत्ता आसात.**
- **भारतीय  हवामान खात्यान फुडल्या 5 ते 6 दिसांखातीर वायव्य, मध्य आनी ईशान्य भारतात उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.**
- **ऑलिंपिक भांगरा पदक विजेतो नीरज चोपडान, 86 पूज्य 18 मीटर भालाफेक करून, पयली नीरज चोपडा क्लासिक 2025ची सरत जिखल्या.**

**<u>पीएम ब्राझील -</u>**

१७व्या ब्रिक्स शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज ब्राझीलांतल्या रिओ द जानैरु शारांत पावले. रिओ हांगा जावपी ब्रिक्स शिखर सभे उपरांत, आपूण ब्राझीलियाक वतलो आनी थंय राष्ट्राध्यक्ष लुईस इनासियो लुला दा सिल्वा हांचे कडेन, उत्पादक चर्चा जावपाची आस्त बाळगता, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां. हाका लागून, भारत आनी ब्राझील हांचे मदली रणनिती भागीदारी, वेपार, संरक्षण, उर्जा, अंतरिक्ष, तंत्रज्ञान, शेतकी, भलायकी आनी लोकां कडेन अशा जायत्या मुखेल क्षेत्रांनी, वाड जातली.

------------------------------------

**पीएम अर्जेंटिना -**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची काल, आर्जेन्टिनाचे राष्ट्राध्यक्ष जॅव्हियर मिली हांचेकडेन फलादिक बसका जाली. ही भेट, 57 वर्सां उपरांत, भारतीय प्रधानमंत्र्यांनी आर्जेन्टिनाक दिल्ली, पयली द्विपक्षीय भेट आसा. दोनूय फुडाऱ्यांची बसका घेतली. उपरांत, द्विपक्षीय संबंद आस्पावपी प्रतिनिधी मंडळ पावडयार, उलोवणी जाली. वेपार आनी वाणिज्य, तंत्रगिन्यान, संरक्षण, अंतरिक्ष, भलायकी, आनी वखदांसयत मुखेल क्षेत्रांनी सहकार्य वाडोवपाक आनी दोनूय देशांमदली रणनिती भागीदारी अदिक खोल करपाक, तांणी मान्यताय दिली.

------------------------------------

**Texas - 54**

टेक्सासांत हुंवार आयिल्ल्यान, 21 जाणते आनी 25 परस चड शिबिरार्थीसयत, उण्यांत उणे 32 जाणांक मरण आयलां आनी ताका लागून व्हड प्रमाणांत, सोडवणूक यत्न चालू आसात. केर काउंटी शेरीफ लॅरी लेइथा हांणी, मरण आयिल्ल्या लोकां मदीं 18 जाणती आनी 14 भुरगीं आसात, अशे सांगलें. तशेंच उण्यांत उणे 27 जाण बेपत्ता आसात, अशेंय तांणी सांगलें.

------------------------------------

**अमरनाथ यात्रा -**

अमरनाथ यात्रेच्या 7 हजार 208 यात्रेकरुंचो पांचवो पंगड, आयज सकाळीं जम्मूंतल्या भगवती नगर यात्री निवास बेस कॅम्पांतल्यान काश्मीर देगणांत गेला. आयज सकाळीं 307 वाहनांचो दळ, यात्रेकरू बेस कॅम्पांतल्यान भायर सरलो. ह्या बॅचांत 5 हजार 258 दादले, 1 हजार 587 बायलो, 30 भुरगीं, 277 साधू आनि 56 साध्वी हांचो आस्पाव आशिल्लो. हातूंतले 3 हजार 199 यात्रेकरुं बाल्टाल बेस कॅम्प आनी 4 हजार 9 यात्रेकरू, पहलगाम बेस कॅम्पांत गेल्यात. थंयच्यान ते पवित्र देवळाकडेन फुडलो प्रवास करतले.

------------------------------------

**कैलाश मनसरोवर यात्रा -**

कैलाश मानसरोवर यात्रा 2025 यात्रेकरुंचो पयलो पंगड, काल उत्तराखंडांतल्या पिठोरा-गढ शारांत पावलो. थंय तांकां लश्करी आनी प्रशासकीय अधिकाऱ्यांनी कुमांव मंडळ विकास निगमात, फुलांच्या येवकार दिलो. पारंपारीक चोलिया नाच आनी वेगवेगळ्या सांस्कृतीक सादरीकरणांक लागून, यात्रेकरुंक ह्या वाठारांतल्या गिरेस्त लोकसंस्कृतायेची झलक मेळ्ळी. ढोल-दमाऊच्या लयबद्ध संगीतान आनी "बम-बम भोले" ह्या जपांन आध्यात्मिक आनी संस्कृतीक नदरेन, जीवंत वातावरण निर्माण जालें. यात्रेकरुंक ह्या प्रवासात, उमेद जाल्लेचे दिसून आयले.

------------------------------------

**Ashadhi Akadashi -**

गोयचे पंढरपूर म्हणून फामाद आशिल्या दिवचल म्हालातल्या विठ्ठलापुर साखळी हांगासल्ल्या श्री विठ्ठल मंदिरात फालया आषाढी एकादशीनिमित्त विंगड विंगड धार्मिक आनि सांस्कृतिक कार्यावळईंचे आयोजन केला. ह्या निमित्तान श्री विठ्ठल मंदिरात सकाळसावन स्वहस्ते अभिषेक करपाची संद भाविकांक मेळटली. त्याच प्रमाण दिसभर तरेकवार धार्मिक कार्यावळी आणि सांजवेळा सांस्कृतिक कार्यावळ जातली. त्याचप्रमाणे दिवचल म्हालात नार्वे ,मुळगाव ,साखळी हरवळे या भागांनी आषाढी एकादशी निमतान तरेकवार कार्यावळीआयोजित केल्यात.

------------------------------------

**फडणवीस -**

शेत लागवडीक चालना दिवपाच्या हेतान घोशणा करतना, महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी सांगलें कि, फुडल्या पांच वर्सांत राज्य सरकार, शेतकी क्षेत्रांत 25 हजार कोटी रुपयांची गुंतवणूक करतलें. शेतीचो खर्च उणो करून उत्पादकता वाडोवप हो हेत आसा. ह्या गुंतवणुकेंत ड्रिप शिंपणावळ प्रणाली, यंत्रणा, शेतकी तळीं, पंप, आनी हेर घटकांचो आस्पाव जातलो. काल सांजे पंढरपूर शेतकी उत्पादन बाजार समितींत जाल्ल्या, 'कृशी पांठरी' शेतकी प्रदर्शनाच्या उक्तावण सुवाळ्यांत,

मुखेलमंत्री फडणवीस उलयताले. बाजार समित्यांवरवीं विपणन येवजणेंतल्यान शेतकारांक पयलींच व्हड प्रमाणांत फायदो मेळटा, अशें मुखेलमंत्री फडणवीस हाणी सांगले. ग्रामीण सहकारी उदरगत संस्थांचें रुपांतर बहुउद्देशीय संस्थांनी करपाची, केंद्र सरकाराची येवजण आसा, जाका लागून तांकां 18 वेगवेगळ्या प्रकारचे वेवसायीक उपक्रम करपाक मेळटले. बाजारपेठ आनी शेतकार हांचे मदीं म्हत्वाचे घटक म्हूण, ह्यो संस्था काम करतल्यो. बऱ्यो सुविधा मेळ्ळ्यार शेतकारांक आपलें उत्पादन व्हड प्रमाणांत फावो त्या दरांत विकपाक मेळटलें, अशेंय मुखेलमंत्री फडणवीस हाणी सांगलें.

------------------------------------

**PM Dalai Lama -**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, 1 पूज्य 4 अब्ज भारतीयांवतीन परम पूज्य दलाई लामाक 90व्या वाडदिसानिमतान परबी भेटयल्यो. सोशल मिडियाचेर प्रधानमंत्री मोदीन दलाई लामा हांचे मोग, करुणा, धीर, नैतीक शिस्त हांचे टिकपी प्रतीक, अशें वर्णन केलां. दलाई लामाच्या संदेशाक लागून सगळ्या धर्मांत, आदर आनी तोखणाय मेळ्ळ्या, अशें प्रधानमंत्र्यांनी दरेक हाडलें. दलाई लामाक बरी भलायकी आनी दीर्घ आयुश्य लाभचे, अशें तांणी मागणें केले.

------------------------------------

**श्यामा प्रसाद मुखर्जी -**

प्रख्यात विचारवंत आनी शिक्षणतज्ञ डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी हांकां आयज, तांच्या जयंती दिसा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, आदरपूर्वक श्रद्धांजली ओपली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें कि, डॉ. मुखर्जी हांणी देशाचो मान, स्वाभिमान आनी अभिमान राखपाखातीर आपलो जीव ओपलो. विकसीत आनी आत्मनिर्भर भारताखातीर डॉ. मुखर्जीचे आदर्श आनी तत्वां अमूल्य आसात, अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

------------------------------------

**PM Ashura -**

अशूरा-ए-मुहर्रम आयज देशांतल्या, वेगवेगळ्या वाठारांनी व्हड श्रद्धेन मनयतात. मुहर्रमाच्या धाव्या दिसा आशूरा निमतान, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हजरत इमाम हुसेन हांणी केल्ल्या बलिदानाचो उगडास केलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें कि, हजरत इमाम हुसेनान आपल्या नीतिच्या वचनबद्धतेचेर भर दिलो आनी लोकांक, संकश्टां मुखार सत्य तिगोवन दवरपाची प्रेरणा दिली.

-------------------------------------

**नीरज चोपडा -**

ऑलिंपिक भांगरा पदक विजेतो नीरज चोपडान, आपली अपवादात्मक फॉर्म चालू दवरून, नीरज चोपडा क्लासिक 2025ची उक्तावण आवृत्ती, जिखल्या. नीरज चोपडान काल सांजे बेंगळुरूच्या श्री कांतीरावा स्टेडियमांत जाल्ल्या, क्लासिक 2025 सर्तींत - संवसारीक एथलेटिक्स भांगरा पावड्यार, सर्तीची उक्तावण आवृत्ती जिखली. ताणें श्यायशी पूज्य 18 मीटर बेस्ट थ्रोचो खिताब जिखलो. केनियाचो ज्युलियन येगो दुसरो जाल्यार श्रीलंकेचो रुमेश पथि-रागेन तिसरो क्रमांक मेळयलो. चोपडान आपल्या दुसऱ्या यत्नांत ब्यायशी पूज्य 99 मीटर भालाफेक करून फुडाकार घेतलो. उपरांत, तिसऱ्या यत्नांत सगळ्यांत मुखार भालाफेक करताना 86 पूज्य 18 मीटर नोंद केलो.

-------------------------------------

**फुटबॉल -**

फुटबॉलांत चियांग माई स्टेडियमाच्या, 700व्या वर्धापन दिसा जाल्ल्या, AFC बायलांच्या आशियाई कप 2026 पात्रताय, गट बी मॅचींत, भारतीय पंगडान यजमान थायलंडाक 2 आड 1 अशे हारयले. फुडल्या वर्सा जावपी मुखेल सर्ती खातीर, भारतीय पंगड पात्र थाराला.

-------------------------------------

**टेनिस -**

टेनिसांत भारताचो युकी भांबरी आनी ताचो अमेरिकन जोडीदार, रॉबर्ट गॅलोवे हाणें, विंबलडन 2025 ग्रॅण्ड स्लॅमांत, काल लंडनांत जाल्ल्या खेळात जैत मेळयला. ह्या जोडयेन आता दादल्यांच्या दोट्टी सर्तीच्या, तिसऱ्या फेरयेंत पावल घाला.

-------------------------------------

**IMD - 100**

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या 5 ते 6 दिसांत वायव्य, मध्य आनी ईशान्य भारतात उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयज हिमाचल प्रदेशाच्या काय सुवातींनी आनी फुडल्या दोन दिसांत, मध्य महाराष्ट्रांतल्या घाट वाठारांनी व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें हवामान खात्यानं कळीत केला. ह्या म्हयन्याच्या 11 तारखेमेरेन उत्तराखंड, उदेंत राजस्थान, उत्तर प्रदेश, आनी अस्तंत राजस्थानात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें हवामान खात्यान कळयला. हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, आनी उत्तर प्रदेशांतय ह्या म्हयन्याच्या 10 तारखे मेरेन, एकसुरेपणान पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच फुडल्या सात दिसांत, कोंकण आनी गोंय, आनी गुजरात वाठारानि पावस पडपाची शक्यताय आसा.

-------------------------------------